# 68 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय खेळां सर्तींखातीर निवड चाचणी

ता. 7 नोव्हेंबर 2024

मध्य प्रदेश हांगा जावपी 68 व्या शालेय खेळां फॅडरेशनच्या राष्ट्रीय सर्तींनी गोंय राज्याचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर खेळगड्यांच्या पंगडांची निवड करपाक खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान सकयले प्रमाण निवड चाचण्यांचे आयोजन केला.

बॅडमिण्टन (अ-14 चले आनी चलयो आनी अ-19 चले) 8 नोव्हेंबर 2024 दिसा मनोहर पर्रीकर स्टेडियम, नावेली. बॅडमिंटन (अ- 17 चले आनी चलयो आनी अ-19 चलयो) 9 नोव्हेंबर 204 दिसा मनोहर पर्रीकर स्टेडियम, नावेली.

वयल्या निवड चाचणी खातीर खेळगड्यांनी सकाळी 9.30 वरांचेर श्री. मंथन आडपाईकर, टीएसओ, साश्ट-मो. नं. 9094762221 आनी आदित्य सांगेलकर, टीएसओ, सांगे- मो. नं. 9923698016 हांचे कडेन संपर्क करचे.

तशेंच बुध्दीबळ (अ-17 चले आनी चलयो) निवड चाचणी 8 नोव्हेंबर 2024 दिसा मल्टिपर्पज इंडोर हॉल, फातोर्डा मडगांव हांगा जातली. खेळगड्यांनी सकाळी 9.30 वरांचेर श्री. शैलेश गावकर, टीएसओ, फोंडा- मो. नं. 9823120623 आनी प्रकाश वेळीप, टीएसओ, धारबांदोडा-मो. नं. 7030638967 हांचे कडेन संपर्क करचो.

निवड चाचणीक हजर रावपी खेळगडो शाळा/ज्युनियर कॉलेजीचो नियमित विद्यार्थी आसपाक जाय आनी आपले शाळेचे वळखपत्र/स्पोर्ट्स कार्ड आनी 3 पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत निवड चाचणीक हजर रावचे.
म्हा /सप/ / विगां/ 2024/615

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.